## National News – Akashwani Panaji

**12 September 2026** **6.30 p.m.**

नमस्कार, आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं स्नेहा गाऊन्स तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता

**BRICS Summit – PM**

भारताच्या २०२६ वर्साच्या ब्रिक्स अध्यक्षते खाला "लवचीकपण, नवनिर्माण, सहकार आनी टिकावूपण निर्माण करप" हो विषय घेवन, नवी दिल्लीच्या भारत मंडपम हांगा आयज दनपारां 18वे ब्रिक्स शिखर परिशदेची सुरवात जाली. दोन दिसांच्या ह्या भव्य कार्यावळींत इकरा वांगडी राश्ट्र आनी धा भागीदार देश एकठांय आयले. ब्राझील, चीन, इजिप्त, इथिओपिया, इंडोनेशिया, भारत, इराण, रशिया, साउदी अरेबिया, दक्षिण आफ्रिका, संयुक्त अरब अमिरात ह्या अकरा मुखेल उदरगतशील आनी विकसीत अर्थवेवस्थेचो आस्पाव आसा. बेलारूस, बोलिव्हिया, कझाकस्तान, क्यूबा, मलेशिया, नायजेरिया, थायलंड, युगांडा, उझबेकिस्तान आनी व्हिएतनाम हेय भागीदार देश ह्या शिखर सभेचे वांटेकार आसात.

रशियेचे राष्ट्रपती व्लादिमीर पुतीन, चीनाचे राष्ट्रपती शी जिनपिंग, दक्षिण आफ्रिकेचे राष्ट्रपती सिरिल रामाफोसा, इजिप्त चे राष्ट्रपती अब्देल फत्ताह एल-सीसी, इंडोनेशिया चे राष्ट्रपती प्राबोवो सुबियांतो आनी इराणचे राष्ट्रपती मसूद पेझेशकियन अशे जायते म्हत्वाचे संवसारीक फुडारी ह्या उचेवेल्या पांवड्यावेल्या शिखर सभेंत वांटेकार जाल्यात.

प्रधानमंत्री मोदी हांणीवांटेकार जावपी सगळ्या संवसारीक फुडाऱ्यांक येवकार दिलो.

उंचेल्या पांवड्यावेल्या कार्यावळी वेळार ब्रिक्स वांगडी देशांच्या फुडाऱ्यांनी जागतीक शासन, बहुपक्षीयताय, वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, अन्न आनी उर्जा सुरक्षा, भलायकी जतनाय, आपत्ती लवचीकपण, आनी गंभीर पुरवण साखळी ह्या सारक्या मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा करपाची अपेक्षा आसा.

**PM- Ethiopia**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इथिओपियाचो प्रधानमंत्री डॉ.अबी अहमद अली हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली. द्विपक्षीय रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करपाच्या हेतान दोनूय फुडाऱ्यांनी

चर्चा केल्ल्याचें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. दोनूय फुडाऱ्यांनी अर्थीक सहकार, संरक्षण आनी सुरक्षा भागीदारी, क्षमता निर्माण करपा सयत मुखेल क्षेत्रांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत प्रधानमंत्री मोदी हांणी अठराव्या ब्रिक्स शिखर सभेंत इथिओपियान वांटो घेतिल्ल्याची तोखणाय केली आनी ताची हाजीरी जागतीक दक्षिणेच्या सामुहीक आवाजाक बळगें दिवपाक मदत करता  अशें नदरेक हाडलें.

**BRICS – Terrorism**

ब्रिक्स राश्ट्रांनी खंयच्याय आतंकवादाच्या कारवायां गुन्यांवकारी आनी अयोग्य अशें म्हणून तांचो खर निशेध केला. 22 एप्रील 2025 दिसा जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो फुडाऱ्यांनी खरपणान निशेध केलो, ह्या हल्ल्यांत 26 जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. आतंकवाद्यांची शिमेभायर हालचाल, आतंकवादाक अर्थीक आदार आनी सुरक्षीत आश्रय अशा सगळ्या प्रकारांनी आनी आतंकवादाक आडावपाची आपली वचनबद्धताय ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी परतून उक्तायल्या.

आतंकवादाचो संबंद खंयच्याच धर्म, राश्ट्रीयता, संस्कृताय वा वंशीक गटा कडेन आसूंक फावना आनी आतंकवादी वावरांत वांटो घेवपी आनी तांकां आदार दिवपी सगळ्यांक जापसालदार धरून संबंदीत राश्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय कायद्या प्रमाण न्यायालयांत हाडपाक जाय अशें फुडाऱ्यांनी सांगलें.

**Pralhad Joshi BRICS**

ब्रिक्स शिखर सभेंत भारत इनोवेट्स एक्सपोझिशन उच्च शिक्षण आनी संशोधन संस्थांतल्यान वयर सरपी नवकल्पना सावसरापर्यंत पावोवपा खातीर तयार केल्या अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हद जोशी हांणी सांगलां. ह्या प्रदर्शनांत सगळ्या मानेस्तांक येवकार दिवप ही भारतखातीर अभिमानाची गजाल. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणा खाला भारताची नवनिर्मिती पद्दत वेगानं वाडल्या. भारत इनोवेट्साच्या प्रवासाक लागून संवसार प्रभावित जाला अशे सोसिअल मीडिया पोस्टांत मिडिया पोस्टांत व्हिडियो संदेशावरवीं जोशी हांणी सांगलें.

**China Sourthen Airlines**

ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखे सावन Guangzhou आनी नवी दिल्ली हांचे मदीं नेमान प्रवासी विमान सेवा सुरू करतले आनी स वर्सांचें निलंबन सोपतले अशें  China Southern Airlines कंपनीन आयज सांगले. 2020 वर्सा कोवीड-19 महामारी सुरू जाले उपरांत भारत आनी चीन हांचे मदली विमान सेवा स्थगीत केल्ली.

**W- Hockey**

बायलांच्या हॉकींत आयज चीनांतल्या मोकी शारांत दक्षिण कोरियाक 5-1 अशी मात करून भारताचो जुनिअर हॉकी पंगड आशिया कप 2026 च्या फायनलींत पावलो. सर्तीच्या निमाण्या मचींत  भारतीय पंगड येजमान चीना आड खेळटलो.

**IMD**

भारत हवामान खात्यान खातीर छत्तीसगड, तेलंगणा आनी विदर्भा ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचे शक्यतांयेखातीर orange alert जारी केला. तशेंच फाल्यां मेरेन उत्तराखंड, गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी छत्तीसगढांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. ओडिशा, तेलंगणा, अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी अश्याच हवामानाची शक्यताय आसा.

ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले राष्ट्रीय  खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले फाल्या सकाळी 8 वरा जावन 40 मिनटांचेर.

नमस्कार